**राज्यपालाकडल्यान गोंयच्या लोकांक दुर्गा पुजेची परबीं**

ता. 30 सप्टेंबर 2022

राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी दुर्गा पुजा उत्सवाच्या शुभप्रसंगार गोंयच्या लोकांक मनाकाळजासावन उर्बेभरीत परबीं भेटयल्या.

राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा, दुर्गा पुजा ही सर्वशक्तीमान दुर्गामाता देवीची आराधना करपाचो उत्सव. णव दीस चलपी ह्या उत्सवाच्या काळांत वेगवेगळ्या अवतारांत दुर्गा माता देवीची आराधना करतात.

दुर्गा पुजा हो उमेद आनी जैताचे प्रतिक आशिल्लो उत्सव कुटुंबातले वांगडी, नातेवाईक आनी शेजाऱ्यांक एकटाय हाडटा आनी एकजूट, सामाजीक अखंडताय आनी सांस्कृतीक एकात्मता मजबूत करपाक मदत करता.

सद्गुणांनी वायट शक्तीचेर मेळयिल्ल्या जैताचे प्रतिक आशिल्लो हो उत्सव समाजाक पिडपी वायट शक्तिंचो नायनाट करून शांतीकाय आनी खुशालकायेक वाट करून दिवपाक आमी सगळ्यांनी प्रयत्न करपाचो संदेश दिता.

ह्या उमेदीच्या प्रसंगार आमी आमची जीण अध्यात्मिकता आनी बुध्दी वरवीं समृध्द करपाचो संकल्प करूया. ह्या वर्साचो दुर्गा पुजा उत्सव प्रत्येकाच्या जीणेत शांतीकाय, भरभराट आनी उत्साह घेवन येव, अशें राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/597

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji